# स्वातंत्र्य दिसा धांवपाच्या सर्तीचें आयोजन

ता. 4 ऑगस्ट 2025

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान भारतीय स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्या निमतान 15 ऑगस्ट 2025 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर धांवपाच्या सर्तीचें आयोजन केला. धांवपाच्या सर्तीची सुरवात पणजेच्या पोरण्या सचिवालया कडल्यान जातली. सर्त तीन वर्गांत जातली. पयलो वर्ग 16 वर्सां सकयले चले आनी चलयां (सर्तकाचो जल्म 15 ऑगस्ट 2009 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय) खातीर पोरणे सचिवालय ते आयनॉक्स आनी परत, दुसरो वर्ग 19 वर्सां सकयले चले आनी चलयां (सर्तकाचो जल्म 15 ऑगस्ट 2006 दिसा वा त्या उपरांत जाल्लो आसपाक जाय) खातीर पोरणे सचिवालय ते कला अकादमी आनी परत आनी तिसरो उकतो गट सगळें दादले आनी बायलो आनी तांच्या खातीर पोरणे सचिवालय ते मिरामार आनी परत, अशी धांवपाची सर्त आसतली. सर्तकांनी नावनोंदणी आनी चेस्ट नंबर मेळोवपा खातीर 15 ऑगस्ट 2025 दिसा सकाळी 8.00 वराचेर पणजे पोरण्या सचिवालया लागी हजर रावचे.

सर्तीत वाटो घेवपा खातीर https://forms.gle/kaPoZ7jMsKY4FY7z6 चेर भेट दिवन गुगल प्रवेशिका भरची. अर्ज करपाची निमाणी तारीख 7 ऑगस्ट 2025 आसा. चड म्हायती खातीर एपीईओ श्री. राजू पवार, मो. नं. 8408091069 आनी श्री. प्रकाश के. सतरकर, मो. नं. 9823269088 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/658

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.